Panaji

Regional News

28 Aug2026,7.20pm

राष्ट्राची राखण करपी धाडसी सैनिकां विशी  उपकाराची भावना आनी आदराची भावना उक्तावपाक  चैतन्य प्रतिष्ठानन , गोंयच्या लोकभवनांत “जवान खातीर एक राखी” कार्यावळ घडोवन हाडली. ह्या कार्यक्रमाक तामिलनादुच्ये राज्यपाल  राजेंद्र अर्लेकार आनी गोंयचे राज्यपाल  पूसपति अशोक गजपती राजू हजीर आशील्ले . विद्यार्थ्यांनी  राज्यपालांक राखी बांदली .सशस्त्र दळांच्या समर्पणाक आनी बलिदानाक मान दिवपाचो आनी नागरिक आनी राष्ट्राचे  धाडसी जवान हांचे मदलें भावनीक नातें घटमूट करपाचो हे कार्यावळींत यत्न जालो..

मुखेलमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी आयज सांखळीच्या रविंद्र भवनांत रक्षाबंधनाचो उत्सव मनयलो. साई नर्सिंग इन्स्टिट्यूटचे विद्यार्थी आनी समर्थकां वांगडा हो उत्सव जालो. तांणी मुख्यमंत्र्याक राखी बांनली. ह्या निमतान मुख्यमंत्र्यान लोकां मदीं मोगाचो, एकठांय येवपाचो आनी एकचाराचो संदेश मांडलो.

बेकायदा धर्मांतरण विरोधी विधेयकाक भारतीय जनता पक्षाच्या कायदो फाट्यान येवकार दिला. घटनेन दिल्ले धार्मिक स्वातंत्र्य आनी आत्मसन्मानाक संरक्षण दिवपी हे विधेयक आसा. बेकायदा धर्मांतरण करतल्यांक ख्यास्त दिवपा सयत पिडीतांक लुकसाण भरपाय दिवपाची तजवीज विधेयकात आसा. हाका लागून आमी विधेयकाक येवकार दितात, अशें भाजपाच्या कायदा फाट्याच्यो निमंत्रक अॅड. सुलेखा शेट्ये हांणी म्हणला. गोंयांत आशिल्लो धर्मिक एकचार आनी शांतिकाय तिगोवन दवरपा खातीर हे विधेयक पूरक थारतलें, अशें अॅड.

कोयराच्या वेवस्थापना खातीर स्थापन केल्ल्या फाट्याची उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांचे फुडारपणा खाला आयज बसका जाली. उत्तर गोंयांत व्हडा प्रमाणात कोयर तयार करपी 248 आस्थापना आसा. हाचे पयकी 32 एजन्सीनी केंद्रीय प्रदूशण नियंत्रण मंडळाच्या पोर्टलाचेर नोंदणी केल्या. उत्तर गोंयचे जिल्होधिकारी अंकीत यादव हांणी ही म्हायती दिली.जी आस्थापना व्हडा प्रमाणात कोयर तयार करतात, तांका प्रदुशण नियंत्रण मंडळाच्या संकेतथळाचेर

नोंदणी करप आवश्यक आसा. हे विशी पंचायतींनी ग्रामसभेत जागृती करची, अशो सूचोवण्यो बसकेत केल्यो. कोयराविशी ज्यो कागाळी येतात, तांची पळोवणी करून कारवाय करपाविशी बसकेत चर्चा जाली.

मुखेलमंत्री रोजगार येवजणेखाला रीण घेवन, जांचो वेवसाय-धंदो चलूक ना तांचेखातीर राज्य सरकारान 'एक्झिट येवजण' जारी केल्या. ह्या येवजणे खाला फकत मूळ रक्कमेची परतफेड करून रीण खाते बंद करपाची सवलत दिल्या. फाटल्या दोन वर्सांच्या काळांत 'मुखेलमंत्री रोजगार योजने' खाला  रीण घेवनूय ज्या उद्योजकांचे वेवसाय अपयशी थरल्यात, अशा उद्योजकांक थकाय दिवपाखातीर राज्य सरकारान ही येवजण जाहीर केल्या. या येवजणे  खाला  रीणकाराक तांचे रीण खातें फकत उरिल्ली मूळ रक्कम दोन म्हयन्यांच्या भितर भरून बंद करपाची संद मेळटली. ह्या रिणावेले कळंतर माफ करपाची ही येवजण आसा

आर्थिक उदरगत महामंडळान ही रीणा दिल्ली. हाच्या खातीर उद्योजकांनी EDC कडेन अर्ज सादर करून तातूंत वेवसाय फुडें चालुक दवरपाक कित्याक शक्य ना ते सांगचे पडटलें तशेंच ताका फाटबळ दिवपी कागदपत्रां जोडची पडटली. वांगडाच दोन म्हयन्यांच्या भितर मूळ रक्कमेची परतफेड कशी करतले हाची येवजण जोडची पडटली अंशें ह्या विशींचे खबरेंत म्हळां

उदकास्त्रोत  मंत्री सुभाष शिरोडकर हानी सांगला की, तिलारी उदक कालव्याची दुरुस्ती सुरु केल्या  आनी  कच्च्या उदकाची  पर्यायी व्यवस्था केल्या.. दुरुस्ती कामाचो  प्रस्ताव विचाराधीन आशील्लो  आणि त्या फाटभुयेर पुराय  उत्तर गोया खातीर  कच्च्या उदकाची व्यवस्था केल्ली .

येरादारी  पोलिसांनी लोकांक  दुहेरी पार्किंग टाळपाचे आनी  येरादारी  सुरक्षा नियमांचे पालन करपाचे आवाहन केला.. वाहतूक अधीक्षकांनी वाहनचालकांक फकत थाराईल्या  जाग्यान्वेर वाहना  उभी करपाचो आनी रस्ते रिकामी दवरपाचो  सल्लो  दिला. . प्रवाशी ,पादचारी आणि रस्त्यार यो- वच करपी लोकांचो आदर  कारपाक  सांगला.  जाबसालदारकेन  पार्किंग केल्यार वाहतूक अधिक सुरक्षित आणि सुरळीत जातली हाचेर   भर  दिला.

शाळांच्या भोंवतणचो ५०० मिटर वाठार 'ड्रग्स-मुक्त वाठार म्हूण जाहीर करून ताची कडक अंमलबजावणी करची अशी कळोवणी राज्य शिक्षण संचालनालयान सगळ्या शाळांक दिल्या. विद्यार्थ्यांपसून ही व्यसना पयस उरची म्हूण देशभरांत चालिक लायिल्ल्या उपक्रमाचो एक वाटो म्हूण, केंद्र सरकारच्या घर मंत्रालयान अमली पदार्थ नियंत्रण ब्युरोन केल्ली सुचोवणी मतीत घेवन शिक्षण संचालनालयान एक परिपत्रक जारी केलां. या परिपत्रका प्रमाण, सगळ्या सरकारी, अनुदानित , बिगर-अनुदानित माध्यमिक, उच्च माध्यमिक आनी खाशेल्या शाळांच्या मुखेल्यांनी या शिफारशीची बेगोबेग आनी योग्य ती दखल घेवंची अशें सांगलां

ढवळी सार्वजनिक श्री गणेशोत्सव मंडळ, ढवळी सार्वजनिक चॅरिटेबल ट्रस्ट आनी व्हिक्टर हॉस्पिटल हांच्या जोडपालवान फाल्या शेनवार, 29ऑगस्ट दिसा ढवळीं फोंडा हांगा भव्य रक्तदान शिबिराचे आयोजन केला.ह्या शिबिराचो उद्देश गरजू रुग्णांक लागीं आनी वेळार रक्त उपलब्ध करून दिवप असो आसा. “रक्तदान करात, जीव वाचयात” ह्या संदेशा वांगडा नागरिकांनी रक्तदान करून भोवशिक कार्यांत योगदान दिवचें, अशें आवाहन आयोजकांनी केला .हें रक्तदान शिबिर सकाळीं ९.३० ते दनपारां १.०० मेरेन, ढवळी सार्वजनिक श्री गणेशोत्सव मंडळ सभाघर, ढवळी, फोंडा – गोंय हांगा जातलें.

समाजांतल्या चडत चड नागरिकांनी, खास करून तरणांट्यानी, ह्या उपक्रमांत उर्बेन वाटेकार जावन रक्तदान करचें आनी गरजू रुग्णांचे जीव वाचोवपाक हातभार लावचो, अशें आयोजकांनी कळीत केलां

रोटरी क्लब ऑफ फोंडा हांच्या वतीन समाजाच्या सुरक्षे खातीर धाडसी आनी मोलाची सेवा दिवपी सात समर्पित सर्पमित्रांचो खास भोवमान केलो.सर्पांचे प्राण वाचोवपा वांगडाच नागरिकांच्या जिवाचे रक्षण आनी निसर्ग संवर्धनांत सर्पमित्रांचे योगदान खूब म्हत्वाचे आसा, अशें सर्पमित्र श्री. चरण देसाई हांणी सांगलें.कार्यावळींत सर्पां विशीं म्हायतीपूर्ण सादरीकरण जालें. हातूंत सर्पां संबंदीत वेगवेगळीं तथ्यां, गैरसमज, सुरक्षेचे उपाय आनी सर्पां विशीं घेवपाची जतनाय हाचे विशीं मार्गदर्शन केलें.

पूराय कार्यावळ खूब म्हायतीपूर्ण,आनी जागृती करपी  थारली..क्लबाचे अध्यक्ष व्यंकटेश नायक हांणी प्रास्ताविक करून सगळयांक येवकार दिलो . प्रवीण कामत हांणी सुत्रसंचालन केले,  शोभा केळेकर हांणी उपकार मानले.

राष्ट्रीय खेळ दिसा निमतान फाल्या राज्यातल्या सगळया उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी 'एक घंटा खेल के मैदान में' उपक्रमाचे आयोजन कारचें अशें खेळ आनी तरनाटे वेवहार संचालनालयान मांगला. हॉकिचे जादूगार मेजर ध्यानचंद हांच्या जल्मदिस २९ ऑगस्ट २०२६ देशभर राष्ट्रीय खेळ दिस म्हूण मनयतात. 'खेलेगा भारत, जितेगा भारत' या देशव्यापी उपक्रमा अंतर्गत सगळया उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी २९ ऑगस्ट २०२६ दिसा ‘मैदानाचेर एक वर’ हो खाशेलो खेळ आनी फिटनेस उपक्रम आयोजीत करचो, अशे खेळ आनी तरनाटे वेवहार संचालनालयाचे संचालक डॉ. अजय गावडे हांणी एका परिपत्रका वरवीं मागला.हातूंत विद्यार्थ्यां खातीर, मनोरंजन खेळ, योगासन, धांवप, एरोबिक्स तशेंच पारंपरिक आनी देसी खेळांचे आयोजन करून भलायके संदर्भांत जागृताय निर्माण करप; आनी विद्यार्थ्यांमदीं निरंतर शारीरिक बळकटाय आनी खेळांची सवय उरची या खातीर उर्बा  दिवपी खेळ ३० ऑगस्टाक आयोजित करचे अशे सुचयलां.

पणजी वेधशाळेन दिल्ले म्हायती प्रमाण फुडले स दिस राज्यान मध्यम ते हलको पावस पडपाचो अदमास आसा . ०३ सप्टेंबर मेरेन पावसा विशीची कसलीच शिटकवनी दिल्ली ना.  आयज पणजे चडान  चढ  तापमान 31.4 जाल्यार उणेन उणे 26.4 नोंद केला.मुरगाव  31.६ आनी 27 नोंद केला.